# B.A. B.Ed. (Semester – VI) Examination, April/May 2018
## METHODOLOGY CUM CONTENT OF KONKANI
## कोंकणी भाशा अध्यापन शिक्षण

Duration : 1 Hour | Total Marks : 30

*सुचोवणी : सगळे प्रस्न **अनिवार्य** जावन आसात.*

१. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन** प्रस्नांच्यो जापो प्रत्येकी सुमार २५० उतरांनी बरयात. (३×५=१५)

क) कोंकणी भाशेच्या पाठ्यपुस्तकाचें म्हत्व स्पश्ट करून, पाठ्यपुस्तकाच्या बहिरंगा विशीं चर्चा करात.

ख) 'भुमिका –पालन' ही पद्दत भाशा अध्यापनांत म्हत्वपूर्ण अशें योगदान दिता, हाचेर तुमचे विचार मांडात.

ग) शिक्षणीक साधनांच्या प्रकारातल्या, 'दृक् साधन' ह्या प्रकारा विशींचें म्हत्व स्पश्ट करात आनी खंयच्याय तीन दृक् साधनांचो प्रभावी अध्यापना पासत कसो उपेग करचो, तें बरयात.

घ) 'उद्गामी प्रणाली' ही 'अवगामी प्रणाली' परस कशी वेगळी आसा, हाचेर भासाभास करात.

२. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **पांच** प्रश्नांच्यो जापो प्रत्येकी सुमार १०० उतरांनी बरयात. (५×३=१५)

अ) 'आदर्श' कोंकणी पाठ्यपुस्तकाचें अंतरंग कशें आसपाक जाय ? (स मुद्दे बरयात)

आ) 'संगणक' आनी 'चित्रपट' ह्या दृक्–श्राव्य साधनांचो भाशा अध्यापनांत प्रभावी असो उपेग, शिक्षक ह्या नात्यान तुमी कशेतरेन करतले ?

इ) 'बुद्दी मंथन' वर्गांत कित्याक आयोजीत करचें, हाचेर योग्य मुद्दे मांडात.

ई) कृती–केंद्रीत अध्यापन प्रणालीचे फायदे बरयात.

उ) तरेकवार 'श्राव्य' साधनां भाशा अध्यापनांत कशे तरेन वापरूंक येतात ?

ऊ) 'संभाशण' ही संकल्पना स्पश्ट करून, तिचें भाशा अध्यापनांतलें म्हत्व बरयात.